बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाचे धनी सौरभ लुथरा आनी गौरव लुथरा हांका थायलंडात पुलीसांनी ताब्यात घेतल्या. तांका बेगीनूच तपासा खातीर अटक करून गोंयांत हाडटले, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगला

३७ वो स्वरसम्राज्ञी गिरीजाताई केळेकर स्मृति संगीत महोत्सव अंदूं १३ आनी १४ डिसेंबराक जातलो

भाजपा सरकार बायलां सत्तेचें आनी शेतकार सत्तेचें सरकार आसून मोदी सरकाराच्या आदारान बायलांक एक टक्के व्याजदरान पयशे मेळटात अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगला

69व्या राष्ट्रीय शाळा खेळां सर्ती खातीर गोंय राज्य पंगडाची निवड करपाक खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालय 17 वर्सां सकयल्या चलयांची कबड्डी खातीर निवड चांचण्यो घडोवन हाडल्या

बर्च बाय रोमिओ लेन ह्या क्लबाक उजो लागून २५ जाणांक मरण आयिल्ले घडणुकेक जर आयपीएस अधिकारी जापसालदार आसत जाल्यार ताची लेगीत चवकशी जातली. आयएएस, आयपीएस वा कोणूय जापसालदार आसत जाल्यार ताका सोडचे नात. चवकशी जातलीच, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केला. दंडाधिकाऱ्या वरवीं सुरू आशिल्ले चवकशेचो अहवाल आयले उपरांत घडणुकेची न्यायालयीन चवकशी करपा खातीर निर्णय जातलो, अशें मुखेल मंत्र्यान हांणी सांगलें. हे घडणुकेचो तपास आनी सुरक्षा स्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बुधवारा बसका घेतली.

पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक आलोक कुमार तशेंच हेर अधिकारी बसकेक हाजीर आशिल्ले. सरकारान दोन अधिकारी आनी तेन्नाच्या पंचायत सचिवांक निलंबीत केलां. हे भायर आतां मेरेन पुलिसांनी क्लबाच्या 7 जाणांक अटक केल्या. परवाने तपासपा खातीर सरकारान ऑडीट सुरक्षा समिती तशेंच कारवाय करपा खातीर देखरेख समिती स्थापन केल्या. पर्यटना संबंदीच्या आस्थापनां कडेन फायर एनओसी वा हेर सुरक्षा यंत्रणां नासलीं जाल्यार समिती कारवाय करतली, अशें ताणी सांगले. हॉटेल्स, बारीं, रेस्टॉरंटां, क्लब, वॉटरस्पोर्टस हांची तपासणी जातली. सुरक्षेचे उपाय नासल्यार परवानो रद्द करपाची कारवाय करपाचे आदेश दिल्यात.मजगती बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाचे धनी सौरभ लुथरा आनी गौरव लुथरा हांका थायलंडात पुलीसांनी ताब्यात घेतल्या. तांका बेगीनूच तपासा खातीर अटक करून गोंयांत हाडटले, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले. क्लबाचे धनी सौरभ आनी गौरव लुथरा हे थायलंडाक पळून गेल्ले. तांका अटक करपा खातीर

पोलीसांनी ब्ल्यू कॉर्नर नोटीस जारी केल्ली. सीबीआय तशेच इंटरपोलच्या मजतीन तांका अटक करपाचे पुलीसांचे येत्न सुरू आशिल्ले.

विशेष सघन सुदारणा (एसआयआर)चो दुसरो पवडो सुरू जालल्या पासून ५० कोटी ९६ लाखांपरस चड गणना फॉर्म वितरित केल्यात आशे वेचणूक आयोगान सांगला सुमार 51 कोटी मतदारांतले 99.98 टक्के मतदार ह्या टप्प्यांत आस्पावतले. तातूंत म्हणलां ही गणना फॉर्म सादर करपाची निमाणी तारीक 11 डिसेंबर आसा झालयार केळर राज्यांखतिर 18 डिसेंबर आसा. वेंचणूक नोंदींच्या एसआयआरचो दुसरो टप्पो 4 नोव्हेंबराक णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रशासित प्रदेशांनी सुरू जालो.

नवीन कामगार संहिते प्रमाण कारखाना मालक कामगारांक १२ वरां कामार रावपाक भाग करतलो पुण तांका फक्त ८ वरांचे वेतन दितलो असो दावो करपी सोशल मीडियार फिरतल्या व्हिडिओचे सरकारान खंडन केला . व्हिडिओत असाय दावो केला की आता कारखाने, कामगारांचो उरिल्लो कालावधी थारायतले. प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरो (PIB) च्या फॅक्ट चेक युनिटान माहिती दिली की हे दोनय दावे फटीचे आसात. युनिटान अशेय म्हणला की नवीन कामगार संहितेप्रमाण कामगारांक ओव्हरटाइम कामा खातीर दुप्पट वेतन दिवचे पडटले आणि ओव्हरटायमा खातीर कामगाराची संमती अनिवार्य आसा

फोंडा पत्रकार संघ आनी गिरिजाताई केळेकार संगीत संमेलन समितीन आयोजीत केल्लो ३७ वो स्वरसम्राज्ञी गिरीजाताई केळेकर स्मृति संगीत महोत्सव अंदूं १३ आनी १४ डिसेंबराक जातलो. श्री गोपाळ गणपती देवळाच्या प्रकारात, फर्मागुडी, फोंडा हांगा जावपी ह्या संगीत संमेलनाच्या उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरो म्हूण रविंद्र भवन साखळीचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमूलकर आसतले. गोवा मराठी अकादेमीचे अध्यक्ष प्राचार्य अनिल सामंत हे उक्तावण सुवाळ्यात मुखेल वक्ते आसतले. ह्या परिशदेंत मनोहर तिळवे, अनिल पिलगांवकार आनी वेणी माधव बोरकार हांकां भोवमान जातले. सावनी शेंडे ,संतोष नाहर, अकरम खान संपदा माने ,अंबर मीरिंकर ऋषिकेश ढवळीकर आदी कलाकार ह्या दोन दिसांच्या संगीत संमेलनात तांची कला सादर करतले.

राज्यसभेन आज युनेस्कोच्या अमूर्त सांस्कृतिक दायज वळेरेत दिवाळीच्या शिलालेखाचे कौतुक केले. राज्यसभेचे अध्यक्ष आनी उपराष्ट्रपती सीपी राधा कृष्णन हाणी म्हणाले की, हो देशा खातीर प्रचंड राष्ट्रीय अभिमानाचो खीण.हो फक्त एक उत्सव न्हय, तर तो काळखा चेर उजवाडाचो आणि अज्ञानार ज्ञानाच्या विजयाचे प्रतीक आसा. दिवाळी हो भारतातलो १६ वो शिलालेख उत्सव आसा. त्यांनी आशा व्यक्त केली की ही कामगिरी

लोकांक देशाच्या समृद्ध दायज .आणि परंपरांचे जतन, प्रचार आणि अभिमानाने नूतनीकरण वचनबद्धतेन मनोवपाक प्रेरित करतले Byte

गोंयांतल्या अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थेन चवथो स्थापणूक दीस मनयलो, तातूंत आयुर्वेदीक भलायकी, संशोधन आनी शिक्षणाच्या मळार व्हड कामगिरी आनी फुडाराच्यो येवजन्याचेर  उजवाड घालो. ह्या कार्यक्रमाचो एक भाग म्हूण संस्थेन प्रसार माध्यमांक 17-19 डिसेंबर 2025 मेरेन नवी दिल्लींत जावपी पारंपारीक वैजकी विशींच्या दुसऱ्या संवसारीक डब्ल्यूएचओ शिखर सभे विशीं म्हायती दिली.एआयआयए चे संचालक प्रा.प्रदीप कुमार प्रजापती आनी एआयआयए गोयची डीन प्रा. सुजाता कदम यांनी दिल्या या माहितीत पारंपरिक वखद  क्षेत्रात भारताच्या वाढत्या जागतिक भूमिकेर लक्ष केंद्रित केला. byte स्थापन दिसा निमतान संस्थेन 'कोलोरेक्टल कार्सिनोमा खातीर एकत्रीत प्रोटोकॉल विकसीत करप' ह्या विशयाचेर दोन दिसांच्या कार्यशाळेचें उक्तावण केलें, जी कॅन्सराचेर बरे उपचार करपा खातीर आयुर्वेदीक आनी आधुनीक वैजकी दृष्टिकोन एकठांय हाडपाचो हेतू आसा. चवथो स्थापन दीस मनयतना एआयआयए गोंयान परतून एक फावट दुयेंतींची जतनाय, शिक्षण आनी संशोधनांत उत्कृश्टताये खातीर आपली वचनबद्धताय परत एकदा अधोरेखित केली,  आनी एकात्मिक आयुर्वेदांत संवसारीक फुडारी जावपाचे दिकेन आपलो प्रवास चालू दवरला.

उत्तर गोंय जिलो परिषद आनी दक्षिण गोंय जिलो परिषद हांचे खातीर मतदान आनी मतां मेजपाच्या दिसा 19 20 आनी 22 डिसेंबराक नगरपालिका वाठार आनी पणजी नगरपालिका म्हामंडळ सोडून गोंय राज्यांतल्या उत्तर गोंय जिलो परिषद आनी दक्षिण गोंय जिलो परिशदेच्या अधिकारक्षेत्रांतल्या वाठारांनी सगळ्यो परवानो आशिल्लीं सोऱ्यांचीं दुकानां बंद दवरची अशें राज्य सरकारान निर्देश दिला.पूण 'बार आनी रेस्टॉरंट' म्हूण परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत जेवण दिवपा खातीर रेस्टॉरंट उक्तें दवरपाची परवानगी आसूं येता, पूण बार काउंटर बंद उरतलो आनी ह्या दिसांनी खंयच्याय प्रकारचो सोरो दिवचे ना. 'बार आनी रेस्टॉरंट' म्हणून परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांच्या मालकांनी दुकानांत 'सोरो दिवचो ना आनी रेस्टॉरंट फकत जेवण दिवपा खातीर उक्तें आसा' अशें स्पश्टपणान बरयल्लें बोर्ड लावचें अशे निर्देश आसा तशेच 19 20 आनी 22 डिसेंबर  ह्या काळांत, गोंय राज्यांतल्या नगरपालिका वाठार आनी पणजी शार सोडून एका सुवाते सावन दुसरे सुवातेर सोरो व्हरपाचेर बंदी घाल्या. संबंदीत तरतुदी आनी नेमा प्रमाण जारी केल्ल्या परवानो घेवूनच खयच्याय  व्यक्तीकडे कमाल प्रमाणात सोरो दवरु येता

2027 वर्सा पयलीं नव्या बोरी पुलाचो बुन्यादी फातर घालपाची आश्वासन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी दिला .बोरी जिल्लो पंचायत उमेदवार पूनम चंद्रकांत सामंत हांचे प्रचारा खातीर बोरीच्या राघवेंद्र स्वामी सभाघरांत जाल्ले प्रचार सभेत ते उलयताले. ह्या वेळार मंत्री सुभाष शिरोडकर, भाजपा शिरोडा प्रभारी आनी वास्को आमदार दाजी सालकर, प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावाईकर, भाजपाचो सरचिटणीस सर्वानंद भगत, शिरोडा भाजपा मंडळ अध्यक्ष अक्षय गांवकार, बोरी जिल्लो पंचायत वांगडी दीपक तिरू नायक बोरकार, बोरी सरपंच सागर नायक, आनी हेर मानेस्त  हाजीर आशिल्ले. भाजपा सरकार बायलां सतेचें आनी शेतकार सतेचें सरकार आसून मोदी सरकाराच्या आदारान बायलांक एक टक्के व्याजदरान पयशे मेळटात अशें तांणी सांगलें. तशेंच आपल्या सरकाराच्या काळांत सगळ्यांचें घर सुरक्षीत दवरपा खातीर म्हजे घर येवजण ही एक वरदान अशें तांणी सांगलें. जाती-धर्माचें राजकारण करपी लोकांक पयस दवरपाचें आवाहन तानी केलें.

24 डिसेंबर 2025 ते 28 डिसेंबर  मेरेन महाराष्ट्रांतल्या कोकमथान हांगा जावपी 69व्या राष्ट्रीय शाळा खेळां सर्ती खातीर गोंय राज्य पंगडाची निवड करपा खातीर खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालय 17 वर्सां सकयल्या चलयांची कबड्डी खातीर निवड चांचण्यो घडोवन हाडटा.ह्यो निवड चांचण्यो 12 डिसेंबराक फोण्या खेळां संकुलांत 2:30 वरांचेर जातल्यो. ह्या चांचण्यांचे प्रभारी दीपक गांवकार आसा

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान   ३४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १८.८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.